Panaji

National News

20 March 2026,6.30pm

## राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी

राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज उत्तर प्रदेशांतल्या वृंदावनांतल्या रामकृष्ण मिशन सेवाश्रम हॉस्पिटलांत नंद किशोर सोमनी ऑन्कोलॉजी ब्लॉकाचें उक्तावण केलें. रामकृष्ण मिशन सेवाश्रमाच्या नव्या ऑन्कोलॉजी ब्लॉकाचो हेतू ह्या वाठारांत कॅन्सराची जतनाय घेवपाची सुविधा घटमूट करपाचो आसा. ऑन्कोलॉजी ब्लॉकांत प्रगत रेडियोथेरपी आनी निदान सुविधा आसात.काल सावन राष्ट्रपती उत्तर प्रदेशांत तीन दिसांच्या भोंवडेर आसात.

## ऑनलायन गेमींग

बेकायदेशीर ऑनलायन गेमींग कार्यावळींचेर चालू आशिल्ल्या कारवायांतल्यान सरकारान 300 बेकायदेशीर जुगार आनी सट्टेचीं संकेतथळां आनी अर्ज आडायल्यात. इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयाच्या सूत्रांनी सांगलें सट्टा आनी मटका जुगार नेटवर्का आडय कारवाय केल्या, तशेंच रियल-मनी कार्ड आनी कॅसिनो गेमींग ॲप्लिकेशनां आडय कारवाय केल्या अशें सूत्रांनी नदरेक हाडलां.

## सिंधु उदका कबलात

इस्लामाबाद आतंकवादाक दिल्लो आदार सोंपमेरेन पाकिस्ताना कडेन जाल्ली सिंधु उदका कबलात स्थगीत उरतली अशें भारतान परतून सांगलां. कबलातीचो हुस्को उक्तावचे पयलीं पाकिस्तानान मनीस जिणेची पवित्रताय सांबाळची पडटली अशें यु.एन.पी. भारतान 1960 वर्साचे कबलात बऱ्या विस्वासांत स्वाक्षरी केली पूण पाकिस्तानान झुजां आनी आतंकवादी हल्ल्यांतल्यान ती कबलात उणी केली अशें तांणी सांगलें.

## एलपीजी उत्पादन

सगळयो शुध्दीकरण केंद्रां फावो त्या प्रमाणांत कच्च्या तेलाची सामुग्री घेवन चडांत चड क्षमतेन काम करतात अशें सरकारान आयज आश्वासन दिलें. घरगुती एलपीजी उत्पादन स्थिर आसा, आनी फावो तो स्टॉक उपलब्ध आसा. आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या अस्तंत आशियांतल्या हालींच्या घडामोडीं विशीं आंतर मंत्रालयीन म्हायती दितना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाची संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी फाटल्या एका सप्तकांत गिरायकांक 11,300 टन वेपारी एलपीजी पुरवण केल्या अशें सांगलें. घरगुती एलपीजी उत्पादनांत 40 टक्क्यांनी वाड जाल्या, आनी किरकोळ विक्री केंद्रांनी ड्राय-आउट ना अशें तिणें सांगलें. ब्लॅक मार्केटिंग आनी होर्डिंगाचेर अंमलबजावणी कृती विशीं उलयतना तिणें सांगलें, काल देशभरांत 4 हजार 500 परस चड धाडी जाल्यात.

## Oral Health Day

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जे पी नड्डा हांणी संवसारीक तोंड भलायकी दिसा निमतान तोंडाची नितळसाण बरी संवय आपणावची असो उलो मारला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री नड्डा हांणी हांस घटमूट आनी भलायकेक बरो दवरपा खातीर योग्य ब्रश करप, साकर आशिल्ल्या खाणांचेर मर्यादा घालप, नेमान दंत तपासणे खातीर वचप अशा साद्या पद्दतींचें म्हत्व सांगलां. तशेंच तोंडाची बरी भलायकी मेळोवपा खातीर भलायकेक बरी संवय तयार करपाक कुटुंबांक एकठांय काम करपाक प्रोत्साहन दिलें. तोंडाची बरी जतनाय घेवप फकत हांसो उजवाडाक दवरताच पूण एकंदर बऱ्यापणा खातीरय आदार दिता अशें मंत्री हांणी सांगलें. लोकांक जागृताय करपा खातीर आनी तोंडाची बरी नितळसाण दर दिसा दवरपाची वचनबद्धताय घेवपा खातीर हो प्रसंग वापरचो अशें भलायकी मंत्र्यान उलो मारला.

## चिमणी दीस

संवसारभर आयज संवसारभर चिमणी दीस मनयतात आनी चिमणींची संख्या नेटान उणी जायत वचपा विशीं जागृताय करपाचो वर्सुकी यत्न सुरू आसा. 2010 वर्सा नेचर फॉरएव्हर सोसायटी ऑफ इंडियान इको-सिस ऍक्शन फावंडेशनाच्या सहकार्यान सुरू केल्लो हो दीस ह्या ल्हान पूण म्हत्वाच्या सुकण्यांक वाडत वचपी धोक्यांचेर भर दिता., नेटान शारीकरण, प्रदुशण, घोंस

घालपाची सुवात ना आनी बदलपी जिणे पद्दतीक लागून चिमणींची संख्या व्हड प्रमाणांत उणी जाल्या. पर्यावरणीय समतोल दवरपाक चिमणींचो म्हत्वाचो वांटो आसता. किडींचे लोकसंख्येचेर नियंत्रण दवरपाक ते मदत करतात आनी परागणांत योगदान दितात, जाका लागून भलायकेन बऱ्या शारी पर्यावरण यंत्रणेखातीर ते म्हत्वाचे थारतात.

<u>ट्राय-नेशन चॅम्पियनशिप</u>

भारतीय फुटबॉल आख्यायिका सुनील क्षेत्री 25 मार्चाक युपियाच्या गोल्डन जुबली आउटडोर स्टेडियमांत जावपी 23 वर्सां सकयल्या ट्राय-नेशन चॅम्पियनशिप 2026 च्या उक्तावण सुवाळयाक हाजीर रावपाचो आसा. श्री क्षेत्री पयलेच खेपे अरुणाचल प्रदेशाक भेट दितले. ताणें सांगलें की ही ताका एक भोव खाशेली संद आनी अरुणाचलांतले लोक ज्या उबदारपण, संस्कृताय आनी फुटबॉलाची अविश्वसनीय आवड वळखतात ती अणभवपाची आस्त बाळगता. ह्या चॅम्पियनशिपांत तीन वांटो घेवपी पंगड- भारत, भूतान, आनी ताजिकिस्तान हांचो आस्पाव जातलो. ह्या म्हयन्याचे 25, 28 आनी 31 तारखेक ह्यो मॅची जावपाची आसा.

<u>भारत हवामान</u>

भारत हवामान खात्यान आयज उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमाचेर व्हड ते सामको व्हड पावस पडपाचो अदमास काडला. आयएमडीन हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडाचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. हवामान एजन्सींतल्यान फुडें दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, बिहार, झारखंड, मध्य प्रदेश, ओडिशा, पंजाब आनी उत्तर प्रदेशाचेर गाराच्या वादळा वांगडा गडगड येवपाचो अदमास काडला. तशेंच दर्यादिगेवेल्या कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ, माहे, आनी देशाच्या ईशान्य भागाचेर वीज पडपा वांगडा गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.